।। विद्या सर्वस्य भूषणम ।।

**PRABODHAN EDUCATION SOCIETY'S**
**Vidya Prabodhini College of Commerce, Education, Computer & Management**
**Vidyanagar, Alto-Parvari, Goa**

**SEMESTER END EXAMINATION – OCTOBER 2017 (Regular/Repeat)**

Sub: **Konkani** | Paper: **Optional** | Semester: **I (F.Y.B.A.B.Ed.)**

M. Marks: **70 marks** | M. Time: **2 hours**

*************************************************************************

सुचोवण्यो:1. सगळे प्रस्न सक्तीचे आसात.
2. प्रस्ना सामकार दरेका प्रस्नाचे गूण बरयल्यात.
3. नवी जाप नव्या पानार बरोवची.

*************************************************************************

प्रस्न 1. सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय तीन** प्रस्नांच्यो जापो बरयात. (15)

1. 'को अहम' ह्या निबंदांत मनशान सोडिल्ल्या मनीसपणाचेर भाश्य केला. तुमच्या उतरांनी मांडात.
2. 'जाणकार-2' ह्या निबंदांत बरोवपी उलोवपाविशी कसले विचार मांडटा?
3. 'शिक्षण' ह्या निबंदांत शिक्षक विद्‌यार्थ्याक पयली कित्याक आपणायना?
4. 'सुकण्या तूं उड' ह्या निबंदांत बरोवपी मनाच्या सुकण्याक कसलो उपदेश दिता?
5. 'तृप्तीचो धेंकर' ह्या निबंदांत निवेदकाची तान भागपाक कसल्यो आडखळी येतात?

प्रस्न 2. सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय तीन** वाक्यांचे संदर्भा सयत स्पश्टीकरण बरयात. (15)

1. "देखून लग्ना बगर गत्यंतर ना''.
2. "ती मनाची गिरेस्तकाय म्हाका दियात.''
3. "..बल्की होशियार भी है आप गोवा के लोग ''
4. "तुमची लायट धड?''.
5. "..पासियेंस कशे काडचें हाचो म्हाका बोध दिता.''

प्रस्न 3.अ) सकयल दिल्ल्या सगळ्या प्रस्नांच्यो जापो बरयात. (05)

1. मूर्त नाम म्हणजें कितें?
2. <u>तो</u> राजूगर कामाक आसलो. (उतराची जात वळखून,परी बरयात.)
3. अर्कमक क्रियापदाची देख दिवपी वाक्य बरयात.
4. अनिश्चीत संख्या विशेशणाची देख दिवपी वाक्य बरयात.
5. अनिलान दनपारच्या जेवणाक <u>गांथन</u> हाडल्या. (उतराची जात वळखून,परी बरयात.)

ब) सकयल दिल्ल्या सगळ्या प्रस्नांच्यो जापो बरयात. (05)

1. नातवान आजयेक अमेरीकेक व्हेली. (लिंग बदलात)
2. आमचें माजर शेजारच्या सुण्याचेर झुडून गेलें.(लिंग बदलात)
3. मानायान सकाळींच पोरसांत आळीं काडलीं . (वचन बदलात)
4. तो कामा वयल्यान घरा आयलो.(वर्तमान काळांत बरयात.)
5. शमा सकाळीं फायली तपासता.( भूत काळांत बरयात.)

प्रस्न 4.अ) 1)तुमचो/ची इश्ट/इश्टीण लग्न जाता. ताका/तिका परबीं भेटोवपी चीट बरयात. (05)

वा

2) तुमचो/ची इश्ट/इश्टीण मुंबय हॉस्टेलार रावता. ताका/तिका दिवाळेचे सुटयेंत घरा आपोवणें दिवपी चीट बरयात. (05)

ब)1) श्री.गणेश गांवकार,शिवोलीं, हांची म्हापसा बाजार, म्हापसा, हांगा कॅशर ह्या पदाचेर नेमणूक जाल्या अशें कळोवपी चीट बरयात. (05)

वा

2)राजभास संचालनालय, पणजी हांणी सरकारी कला आनी वाणिज्य म्हाविद्यालय, वाळपय ह्या म्हाविद्यालयांतल्यान कोंकणी शिकपी विद्यार्थ्यांची वळेरी मागयल्ली. ताची याद करून दिवपी उगडास पत्र बरयात. (05)

प्रस्न 5.अ). सकयल दिल्लो उतारो कोंकणींत अणकार करात. (05)

Durga dozed off, waiting for Ratnu to return. Tomorrow was Election Day. Since Ratnu had taken upon himself for providing breakfast and lunch to the party workers, Durga had already boiled and readied potatoes. She had wanted to go to bed early so as to be up at dawn for the long day ahead. But here she was, yet to reach her bed.

ब). सकयल दिल्लो उतारो इंग्लीशींत अणकार करात. (05)

धर्मानंद कोंसबी म्हणल्यार बौद्ध पंथाचो बारीकसाणेन अभ्यास करुन संवसारीक किर्त जोडपी एक महान गोंयकार पंडित.धर्मानंद कोंसबी हांचो जल्म ९ अक्टोबर १८७६ ह्या दिसा सांकवाळ हांगा जालो. भावंडां मदीं तो सगळ्यांत ल्हान आसलो.धर्मानंदाचो जल्म जालो तेन्ना ताची आवय खूब दुयेंत पडिल्ली, देखून ताका नांव दवरपाचे भानगडीत कोणूच पडलो ना.ताका पिवपाक भायलें दूद दिवचें पडटालें.

प्रस्न 6.सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय धा** प्रशासकीय उतरां कोंकणींत बरयात. (10)

1. Agreement
2. Authority
3. By air mail
4. Course
5. Corrigendum
6. Demotion
7. Estimate
8. For sanction
9. Granted
10. Hereunder
11. Inspection
12. Justify
13. Keep safe distance
14. Log book

****************************************************************************